## ANAJI NATIONAL NEWS AT 6:30PM

**PRESIDENT :**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज नवी दिल्लींत 'एकात्मिक आदिवासी उदरगत संस्थांचें सशक्तीकरण आनी एकत्रीत आदिवासी उदरगत प्रकल्पांचें सशक्तीकरण' ह्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण केलें. देशभरांत रावपी आदिवासी समाज संस्कृतीक नदरेन खूब गिरेस्त आसा आनी ह्या आदिवासी समाजाक उदरगतीच्या मार्गाचेर व्हरपा खातीर जाणीवपूर्वक यत्न करपाची गरज आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी ह्या संदर्भार उलयतना सांगलें. उदरगतीचें फळ देशांतल्या दरेका घरांत आनी दरेका गांवांत पावपाक जाय असोय उल्लेख तिणें केला.

**PRIME MINISTER :**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत नेपाळाचे 'राष्ट्रीय स्वतंत्र पार्टी'चे अध्यक्ष रवी लामिछाने हांची भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारताच्या धोरणांतल्यान नेपाळ हो शेजार प्राधान्य भागीदार देश आसा अशें सांगलां. दोनूय देशां मदले खाशेले आनी भोवआयामी संबंद चड उंचायेर व्हरपा खातीर नेपाळांतल्या नव्या सरकारा वांगडा वावुरपाची भारत आस्त आसा अशें तांणी फुडें सांगलें. दोनूय देशांनी एकठांय येवन वांटून घेवपी आनी समृध्द फुडारा खातीर वावर करपाची इत्सा राष्ट्रीय स्वतंत्र पार्टी'चे अध्यक्ष रवी लामिछाने हांच्या विचारांक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी येवकार दिलो.

**Information and Broadcasting Minister Ashwini Vaishnaw :**

भारतीय विमान कंपन्याच्या घरगुती आनी आंतरराष्ट्रीय कार्यावळींक आदार दिवपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान `10,000 कोटी ATF `एटीएफ (विमान इंधन) दर स्थिरीकरण निधी' मान्य केला. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें की हो एक सांबाळपी निधी; जी भारतांतल्या नियोजीत विमान कंपन्यां खातीर ATF एटीएफचे दर स्थीर करपाक मदत करतले. ह्या निर्णयाक लागून

विमान पर्यावरण यंत्रणेचेर आदारून आशिल्ल्या 77 लाख नोकऱ्यांची राखण जातली. अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाक लागून आंतरराष्ट्रीय ATF एटीएफचे दर अंदूं मार्चांत दर लिटराक 60.5 रुपया आशिल्ले ते मे म्हयन्यांत 142 रुपया जाल्यात.

**Solar growth market in 2025.**

वर्सुकी सौर क्षमता वाडोवपाच्या मळार भारतान अमेरिकेक मात करून 2025 मेरेन संवसारांतलें दुसरें व्हडलें सौर बाजारपेठ जावपाचें आसा. भारतांत 155 गीगावॅट (जीडब्ल्यू) सौर क्षमता स्थापन करपाचो म्हत्वाचो मार्गदर्शक ध्येय साध्य केला. हाका लागून देशाक '50% बिगर जीवाश्म इंधन क्षमता'(non FOSSIL FUEL) आनी 'राष्ट्रीय थारायिल्लें योगदान' (एनडीसी) वेळा पयलींच पुराय करपाक मदत जाल्या. 'पीएम सूर्य घर येवजण' सारकिले महत्वाकांक्षी उपक्रम जिणेंत बदल घडोवन हाडटात; हे येवजणे खाला आतां मेरेन 40 लाखां वयर घरांक 'रूफटॉप सोलर' सुविधांनी सक्षम केल्यात.

**Gold stock :**

भांगराच्या विक्रीच्या अहवालांक खंडन करतना भारतीय रिझर्व्ह बँकेन आयज स्पश्ट केलें की ताच्या भौतिक भांगराच्या सांठ्यांत बदल जावंक ना; हे साठे ८८०.५२ टन स्थीर उरल्यात. अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शाक लागून परकी चलन साठ्यांचेर जावपी परिणामा आडावपा खातीर केंद्रीय बँकेन सुमार 12 अब्ज डॉलर भांगर विकलां आसूं येता अशें अहवालां उपरांत आरबीआयचें हें स्पश्टीकरण जालां.